22nd June 2026 8.40am

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- घटमुट समुद्री क्षमता हि खंयच्याय देशाच्या अर्थिक आनी रणनीतीक प्रभावाखातीर निर्णायक आसता आनी भारत देश त्या प्रमाण स्वतःक तयार करता, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां .
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू मध्य प्रदेशांतल्या कुनो राष्ट्रीय उद्यानाच्या भेटेर आसात. चीता पुनर्वसन प्रकल्पाच्या प्रगतीचो राष्ट्रपतीनी घेतलो नियाळ.
- भारतांत आयज सावन नवी दिल्लींत, ब्रिक्स राश्ट्रीय सुरक्षा सल्लागारांची दोन दिसांची बसका जातली.
- राष्ट्रीय परीक्षा एजन्सीन, युजीसी नेट जून 2026, परिक्षेक सुरवात केल्या.
- भारतीय हवामान खात्यान आयज, आसाम आनी मेघालयांत, व्हडा प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास उक्तावन रेड अलर्ट जारी केला.

पीएम जहाज - 110

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आधुनिक जगात, दर्या सामर्थ्याच्या महत्त्वाचेर भर दिला. देशाचो आर्थिक आनी सामरिक प्रभाव निश्चित करपात, दर्या क्षमतांची भूमिका निर्णायक आशिल्ल्याचे प्रधानमंत्र्यांनी अधोरेखित केला. भारताक या वास्तवाची पूराय जाणीव असून, देश त्या प्रमाण स्वतःक सज्ज करता, अशे तांणी सांगले. पश्चिम बंगालात कोलकाता हांगा श्यामा प्रसाद मुखर्जी बंदरार, तीन स्वदेशी बनावटीच्या नौदल जहाजांचे - प्रगत 'स्टेल्थ फ्रिगेट' - 'आयएनएस दुनागिरी', 'आयएनएस संशोधक' आणि पाणबुडीविरोधी युद्ध क्षमता आशिल्ले, उथळ उदकातले जहाज 'आयएनएस अग्रय' - हांचे लोकार्पण केल्या, उपरांत प्रधानमंत्री उलयताले. विकास, सुरक्षा आणि समृद्धी हाचो महासागरांकडे लागीचो संबंध आसा. जगातले चडशे व्यापार दर्यामार्गांनी चलतात आणि महासागरांच्या तळाकडेन प्रचंड जागतिक डेटा नेटवर्क्स कार्यरत आसात, अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी मुखार सांगले.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज मध्य प्रदेशांतल्या शेओपूर जिल्ह्यांतल्या, कुनो राष्ट्रीय उद्यानाक भेट दितल्यो. ह्या भेटी वेळार पार्कांत सफारी करून चीता पुनर्वसन प्रकल्पाच्या प्रगतीचो राष्ट्रपती नियाळ घेतली. तशेंच त्यो 'चित्ता मित्र', चित्ता ट्रॅकर्स, थळावे रान कर्मचारी आणि पर्यटक मार्गदर्शक म्हणून काम करपी सहारिया जमातीचे वांगडी, हांचे कडेन संवाद सादून तांचे अणभव आनी प्रकल्पांतली तांची भुमिका जाणून घेतल्यो.

भारतांत आयज सावन नवी दिल्लींत, ब्रिक्स राश्ट्रीय सुरक्षा सल्लागारांची दोन दिसांची बसका जातली. गटाच्या 11 वांगडी देशांतल्या सुरक्षा मुखेल्यांक एकठांय हाडपी ह्या बसकेंचे, राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल अध्यक्षपद सांबाळटले. तातूंत भारत, ब्राझील, चीन, इजिप्त, इथिओपिया, इंडोनेशिया, इराण, रशिया, साउदी

अरेबिया, दक्षिण आफ्रिका आनी युएई हांचो आस्पाव जाता. ‘संवसाराक तोंड दिवपी बिगर पारंपारीक सुरक्षा आव्हानां’ ह्या विशयाचेर बसकेंत भर दितले. राष्ट्रीय सुरक्षा धोक्यांचे नेटान विकसीत जावपी स्वरुप आनी सुरक्षा धोक्यांत नव्या तंत्रगिन्यानाची भुमिका, हांचेर केंद्रीत चर्चा जातली. तशेंच सायबर सुरक्षा, डिजिटल असुरक्षीतताय आनी कृत्रीम बुद्धिमत्ते वरवीं चलपी धोक्यांची, प्रतिनिधी ह्या बसकेंत चर्चा करतले.

राष्ट्रीय चांचणी एजन्सीन काल सावन, युजीसी नेट जून 2026 परिक्षेक सुरवात केली. ही राष्ट्रीय पांवड्यावेली पात्रताय परिक्षा ‘कंप्यूटर आदारीत चांचणी’ (सीबीटी) मोडांत, ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखे मेरेन दर दिसा दोन सत्रांनी जातली. ही यूजीसी नेट परिक्षा ‘जूनियर रिसर्च फेलोशिप’ (जेआरएफ), ‘सहाय्यक प्राध्यापक’ पदां आनी पी.एच.डी अभ्यासक्रमांत प्रवेश मेळोवपा खातीर, पात्र थारपाक सोदपी उमेदवारांखातीर घेतात.

निरोगी पिराये खातीर योग या संकल्पनेचेर, काल भारता वांगडाच संवसारभर आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनयलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी योग दिसा निमतान सांगले, कि 21 जून हो दीस धर्तरेच्या कांय वाठारांनी सगळ्यांत लांब दीस. योगाक लागून आतां हो सगळ्यांत व्हडलो समाजीक उत्सवाचो दीस जाला. योग मनशाच्या आत्म्याची अभिव्यक्ती आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्र्यांनीं सांगलें.

राश्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू काल, राणी दुर्गावती विद्यापीठांत छत्तीसाव्या दिक्षांत सुवाळ्यांत वांटेकार जाल्ल्यो. तांणी ह्या वेळार गुणेस्त विद्यार्थ्यांक भांगरा पदकां भेटयलीं. राणी दुर्गावती ह्यो धैर्य आनी पराक्रमाचें प्रतिक आशिल्ली. फुडल्या पिळगेन तीची देख घेवपा सारखी आसा, अशें ह्या वेळार उलयतनां राष्ट्रपती मुर्मु हांणीं सांगलें. आदिवासी समाज, वंचित वर्ग, आनी चलयांक सशक्त करपा खातीर शिक्षणाचें म्हत्वाचेर राष्ट्रपती मुर्मुं हांणी भर दिलो.

केंद्रीय अन्वेषण विभागान ६२ कोटी ४२ लाख रुपयांच्या कथित बँक फटवणुकी प्रकरणात, मुंबईस्थित एका कंपनीच्या भागीदारांकडे संबंधित खुपशां सुवातांचेर आणि हेर काय कडेन छापे घाले. 'इंडियन बँक'च्या मुंबईतल्या 'सॅम' शाखेन केल्या कागाळी वेल्यान, या महिन्याच्या १८ तारखेक गुन्याव दाखल केलो आणि उपरांत ही कारवाय केली, अशे सी.बी.आयन एका निवेदनात म्हणला. तपासणी वेळार आक्षेपार्ह कागदपत्रां मेळल्या आणि ती जप्त केल्यात, अशी माहिती विभागान दिल्या.

सी.बी.एस.ईन यत्ता १२ वीच्या गुण पडताळणी आनी पुनर्मूल्यांकनाचे निकाल जाहीर करपाक सुरवात केल्या. टप्प्या टप्प्यान निकाल जाहीर करतात आनी मेळिल्ल्या वट्ट अर्जांपैकी, 87 टक्क्यां परस चड अर्जांचे निकाल कालच जाहीर जाले, अशें मंडळान निवेदनांत स्पश्ट केलां. विद्यार्थ्यांनी आपल्या अर्जांची सद्यस्थिती results.digilocker.gov.in ह्या संकेतथळार तपासू येता.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी 'आंतरराष्ट्रीय योग दिस २०२६' हो जागतिक पावंड्यावेलो उत्सव केल्याबद्दल, संवसारभरातल्या लोकांचे उपकार मानले. सोशल मीडियाचेर एका पोस्टात ताणी म्हणला की, भलायकेच्या सामायिक ध्येया खातीर वेगवेगळ्या क्षेत्रांतले आणि वेगवेगळ्या देशांतल्या लोकांक, योगाक लागुन एकठांय येतना पळोवप हे खोशी दिवपी आसा. फुडारात अधिकाधिक लोकांक योगाचो, दिसपट्या जीणेचो भाग करपाक, हो दिस प्रेरणा दितलो, अशी आशाय तांणी उक्तायली.

भारत आपल्या 'ब्रिक्स अध्यक्षपदांतर्गत या महिन्याच्या २५ आणि २६ तारखेक, हरियाणातल्या गुरुग्राम हांगा ११व्या 'ब्रिक्स' ऊर्जा मंत्र्यांच्या बसकेचे यजमानपदार आसतलो. ही बसका तीन मुखेल प्राधान्यक्रमांचेर केंद्रित आसा: ऊर्जा सुरक्षा आणि शाश्वतता, ऊर्जेची उपलब्धता आणि समानता, तसेच तंत्रज्ञान आणि नाविन्यपूर्णता. ऊर्जा सुरक्षा, शाश्वतता आणि नाविन्यपूर्णता या क्षेत्रांतले सहकार्य अधिक घटमुट करपाक, ब्रिक्सच्या सगळ्या ११ सदस्य देशांचे, ऊर्जा मंत्री आणि वरिष्ठ अधिकारी या बसकेत वाटेकार जातले.

मध्य प्रदेशांत शिक्षण, शेती, सैमाचें रक्षण आनी उदकाचो प्रस्न सुटावो करपा खातीर मोलादीक वावर करपी समाज कार्यकर्ते श्री. मोहन नागर हे 2026 वर्साचे पद्मश्री जैतिवंत थारल्यात. आता आयकुया तांच्या उतरांनीं तांच्या कार्या विशीं हि म्हायती.

बायलांच्या क्रिकेटांत काल रातीं, मॅनचेस्टरांत जाल्ल्या आय.सी.सी टी-20 विश्वचषकांतल्या, अ गटांतल्या मॅचींत दक्षिण आफ्रिकेन, भारताक 6 विकेटींनी हारयलो. 159 धांवड्यांच्या अव्हानाक प्रतिसाद दितना, दक्षिण आफ्रिकेन ५ बॉल बाकी असताना, ४ गडे वगडावन १६१ धावडयो केल्यो. ताज-मीन ब्रिट्सान 40 धावडयो केल्यो. जाल्यार, श्री चरणीन भारता खातीर 3 विकेटी घेतल्यो. मारि-झान कॅप हिका 'सामनावीर' म्हणून घोषित केली.

भारतीय हवामान खात्यान आयज, आसाम आनी मेघालयांत, व्हडा प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास उक्तावन रेड अलर्ट जारी केला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण अरुणाचल प्रदेश, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम वाठारांत मोठो पावस पडपाची शक्यताय आसा. फाल्यां मेरेन बिहार, ओडिशा, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय आनी लक्षद्वीपार लेगीत पावस लागतलो. मजगतीं, फुडले तीन दीस विदर्भात, खर उश्णताय ल्हार पातळपाची शक्यताय हवामान खात्यानं उक्तायल्या.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- घटमुट समुद्री क्षमता हि खंयच्याय देशाच्या अर्थिक आनी रणनीतीक प्रभावाखातीर निर्णायक आसता आनी भारत देश त्या प्रमाण स्वतःक तयार करता, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां .

- राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू मध्य प्रदेशांतल्या कुनो राष्ट्रीय उद्यानाच्या भेटेर आसात. चीता पुनर्वसन प्रकल्पाच्या प्रगतीचो राष्ट्रपतीनी घेतलो नियाळ.

- भारतांत आयज सावन नवी दिल्लींत, ब्रिक्स राश्ट्रीय सुरक्षा सल्लागारांची दोन दिसांची बसका जातली.

- राष्ट्रीय परीक्षा एजन्सीन, युजीसी नेट जून 2026, परिक्षेक सुरवात केल्या.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज, आसाम आनी मेघालयांत, व्हडा प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास उक्तावन रेड अलर्ट जारी केला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले,  आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!